गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

<u>सरकारी पत्रक</u>

**<u>26 सप्टेंबराक कला महाविद्यालयाचो नामनेच्या कला संस्थां वांगडा समंजस करार</u>**

ता. 24 सप्टेंबर 2019

गोंय कला महाविद्यालयाचो मुंबयच्या सर जे. जे. स्कूल ऑफ आर्ट आनी सर जे.जे. इन्स्टिट्यूट ऑफ अप्लाईड आर्ट तशेंच मंगळूर कर्नाटकच्या महालसा कॉलेज ऑफ व्हिज्युअल आर्ट ह्या नामनेच्या संस्थांवांगडा ता. 26 सप्टेंबर 2019 दिसा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हाजिरीत समंजस करार जातलो. महाविद्यालयांत जावपी ह्या समंजस करार कार्यक्रमाक संबंदीत संस्थांचे संचालक, प्राचार्य, शिक्षक आनी प्रतिनिधी उपस्थित आसतले.

गोंय कला महाविद्यालयाच्या विद्यार्थ्यांक कला अभ्यासक्रमा वांगडाच भायल्या जगात कले संबंदीत वेवसायीक आनी उद्देगीक मळार जावपी घडामोडींची प्रत्यक्ष म्हायती आनी अनुभव मेळचो ह्या उद्देशान हो करार जाता. हो करार गोंय कला महाविद्यालया खातीर एक इतिहासीक पावल थारतले आनी ह्या कराराच्या माध्यमातल्यान विद्यार्थ्यांक भविश्यातल्यों वेवसायीक संधी आनी आव्हानांक फुडो करपाक सोपे जातले. तशेंच विद्यार्थ्यांची प्रगती जावपा वांगडाच कला महाविद्यालयाचेय नांव कलेच्या मळार वयर सरपाक मदत जातली.

ह्या समंजस करारा निमतान गोंय कला महाविद्यालयान विद्यार्थ्यांच्या कलाकृतीचें प्रदर्शन आयोजीत केला. मानेस्तांच्या हस्तूकीं ह्या प्रदर्शनाचे उकतावण जातले. हे प्रदर्शन ता. 4 ऑक्टोबर 2019 मेरेन कलाप्रेमी आनी विद्यार्थ्यां खातीर उकते आसतले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/613

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA